**नाविकांक सुचोवणी**

ता. 19 मे 2022

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या  विज्ञान संस्थेवतीन 19 आनी 26 मे 2022 दिसा मांडवी न्हंयत पणजेच्या नुस्तेमारी जेटीलागी आनी जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत, 20 आनी 25 मे 2022 दिसा तेरेखोल न्हंयत आरोंदा पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत आनी शापोरा न्हंयत कोळवाळ-धारगळ पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत उदकाच्या प्रवाहाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर वयल्या न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसा खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/360

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji